**उत्तर गोंयांत परवानगी बगर रस्ते खणपाक बंदी**

ता. 7 सप्टेंबर 2020

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान गुन्यांवकारी कायदो 1973 च्या कलम 144 खाला खंयचीय व्यक्ती, एजन्सी, संस्था, सरकारी विभाग, थळावी संस्था, भौशीक यंत्रणां आनी हेरांक उत्तर गोंयांत शारां आनी गावांतले भौशीक रस्ते जिल्हाधिकाऱ्याच्या पुर्व लेखी परवानगी बगर खणपाक बंदी करपी आदेश लागू केला.

ही बंदी वीज पुरवण, उदका पुरवण, टेलीफोन अशी भौशीक उपेगी सेवा दिवपी वीज खाते, बीएसएनएल, भौशीक खाते अशा सरकारी यंत्रणांक लागू आसची ना.

पुण अशां सेवांखातीर खंयचोय रस्तो खणपाची गरज पडली जाल्यार खणील्लो रस्तो 6 वरांभितर आसा तसो पुरोवपाक जाय आनी 24 वरांभितर वेवस्थीत तरेन डांबर वा सिमेंटान दुरूस्त करपाक जाय.

ह्या आदेशाक पाळो न दिवप्यांचेर कायदेशीर कारवाय जातली. हो आदेश 17 ऑगस्ट 2020 सावन 60 दीस मेरेन लागू उरतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/442

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA